## अन्नाची नाशाडी टाळपाखातीर उपक्रम

ता. 25 ऑक्टोबर 2022

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान देशातल्या विंगड विंगड अन्न वांटप नेटवर्कच्या समन्वयान सेव्ह फूड, शेअर फूड, शेअर जॉय उपक्रम सुरू केला. ह्या उपक्रमाचो उद्देश अन्नाचो इबाड कमी करप आनी चडांत चड अन्न पद्धतशीरपणान एकटाय करून ते उपाशी आशिल्ल्या आनी गरजू लोकांक दिवप.

ह्या उपक्रमा वरवीं अन्न तयार करतना आनी वापरतना योग्य निर्णय घेवन अन्नाची नाशाडी कमी करपाच्या संस्कृतीक चालना मेळटली आनी घरां, मेजवानी, हॉटेल्स, भौशीक तशेंच खाजगी संस्था आऩी कार्यावळींनी उरपी अतिरिक्त अन्न एकटाय करपाखातीर अन्न वांटप करपी एजन्सींक सहकार्य करप हो ह्या उपक्रमाचो हेतू आसा.

ह्या उपक्रमाची यशस्वी अंमलबजावणी करपा खातीर अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान सगळ्यां नागरिकांक अन्न रांदतना आणि खातना अन्नाचो कमीत कमी इबाड जातलो हाची जतनाय घेवपाचो उलो मारला. अशें केल्ल्यान वल्हो कोयर कमी जावन पर्यावरणाचो सांबाळ जावपाक मदत जातली.

तशेंच नागरिक, खाजगी कार्यालयां, बँक्वेट हॉल, केटरर्स, कॉर्पोरेट संस्थांनी अन्न संकलन करपी एजन्सींकडेन नोंदणी करून आपल्यो मेजवानी आनी कार्यावळींनी वा तांच्या कर्मचाऱ्यांक जेवण पुरवण करपी खाजगी कंपन्यांकडल्यान तयार जावपी जास्त अन्न अशां अन्न संकलन करपी एजन्सींक दिवचे, अशी विनंती अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/665

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji